# राज्यपालाकडल्यान भुरग्यांक बालदीसाची परबीं

ता. 13 नाव्हेंबर 2017

22 कार्तिक 1939

गोंयची राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या भुरग्यांक बालदीसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, भारताचे पयले प्रधानमंत्री पंडित जवाहरलाल नेहरू हांचो वाडदीस 14 नोव्हेंबर भारतात बालदीस म्हुण मनयतात. भुरग्यांचे हक्क, काळजी आनी शिक्षणाविशी लोकांमदी जाग्रुताय करपाखातीर हो दीस मनयतात. भुरगीं ही आमच्या देशाचे भावी नागरीक आनी ती आमच्या देशाचे फुडारपण करतली म्हुण देशाचे यश आनी विकासाखातीर भुरगीं म्हत्वाचो घटक आसा.

श्रीमती सिन्हा फुडें म्हणटा, बालदीस आमका अनेक म्हत्वाच्या मुल्यांची शिकवण दिता. आमच्या ह्या भुरग्यांची वायट गजालीपासून सांबाळ करप तशेंच शारीकरण, उद्देगीकीकरण, वेपारीकरण आनी भौतिकीकरणाच्या नकारात्मक परिणामातल्यान तांची राखण करप आमचे कर्तव्य जावन आसा. आयज भुरगीं घुवळी वखंद्दा वेपार, लैंगिकता, सोऱ्याचो वेपार, बाल मजूरी, अत्याचार, हिंसा आनी हेर वायट कृत्यांनी बळी पडटात. आमच्या देशातल्या हजारांनी भुरग्यांकडल्यान अल्प मोबदलो दिवन वरांची वरां कश्टांची कामां करून घेतात. शेकड्यांनी भुरगीं आधुनिक शिक्षणापासून वंचीत आसात ते खातीर आमच्या भारत भुयेंत भुरग्यांचेर वेगवेगळे तरेन जावपी अत्याचार थांबोवपाची गरज आसा. अशा दीसा आमका भुरग्यांचे म्हत्व कळून येता. आमच्या देशाचे भविश्य भुरग्यांच्या हातात आशिल्यान तांका मोग दिवपाक जाय आनी तांची काळजी घेवपाक जाय, अशें पंडित जवाहरलाल नेहरू मानताले. हो दीस भुरग्यांखातीर खऱ्यानीच म्हत्वाचो आसा. ती आमच्या देशाची संपत्ती, भविश्य आनी हावेस जावन आसा. भोळेपण, काळजा-मनाची शुध्दताय, मोग आनी आपूलकी भुरग्यांच्या स्वभावाचे आदर्श गुण जावन आसात.

भुरगीं ही देशाची व्हड संपत्ती. भुरग्यांमदल्या कुशळतायेच्या उदरगतीतल्यान देशाचो विकास वा प्रगती करप शक्य आसा. भारता सारख्या देशात, जंय भुरग्यांच्या टक्केवारीचे प्रमाण बरे आसा, थंय भुरग्यांच्या सर्वांगिण विकासाचेर चड लक्ष दिवपाची गरज आसा. बालदीसा सारखो दीस ह्या दिशेन योग्य पावल आसा आनी तांका मोग, आपूलकी आनी विकासाची संदी दिवपाक आमका उर्बा दिता.

स्वच्छ भारत अभियानाची ॲम्बासडर म्हुण हांव प्रत्येक भारतीय नागरीकांन स्वच्छ भात अभियानाखातीर थोडेतरी योगदान दिवपाचो उलो मारता. आमी आमच्या भुरग्यांक दिसपट्टे जीणेत नितळसाणेचे म्हत्व पटोवन दिवपाक जाय. भुरगेपणातच नितळसाणेची सवय लावन घेवपाक जाय. नितळसाण ही बरी सवय, ती न्हय फकत स्वताखातीर जाल्यार कुटुंब, समाज, देश आनी संवसाराखातीर फायदेशीर आसा. ही सवय खंयच्याय पिरायेचेर लावन घेवप शक्य आसा पूण भुरगेपणात ती लावन घेवप योग्य आसता. हांव परत एकदा बालदीसाच्या प्रसंगार गोंयच्या भुरग्यांक म्हजी परबीं दिता, अशें राज्यपाल म्हणटा.